**Panaji regional news 02 .08.2025   7.20pm**

**मुख्यमंतरी डॉ.प्रमोद**

गोंयच्या साखळी हांगा मुख्यमंतरी डॉ.प्रमोद सावंत हाजिरेंत पीएम-किसान सम्मान निधी येवजवेच्या कार्यावळीचें थेट  प्रसारण जाले . पी आतां मेरेन गोंयांतल्या सुमार साडे स हजार शेतकारांच्या बँक खात्यांत वट्ट 24 कोटी रुपयांची रक्कम 20 हप्त्यांनी जमा जाल्या अशे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. एकत्रीत शेती वरवीं शेतकारांक सशक्त करतले अशे तांणी मुखार म्हणले

**पीएम-किसान**)

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उत्तर प्रदेशात त्यांच्या संसदीय मतदारसंघ वाराणसीत प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी (पीएम-किसान) योजनेचो २० वो हप्तो जाहीर केलो. या हप्त्यात, नऊ कोटी सत्तर लाखांपरस चड शेतकऱ्यांक २०,५०० कोटी रुपये वितरित केले. या निधीसयत, योजनेच्या स्थापनेपासून आतामेरेन एकूण ३.९० लाख कोटी रुपयांचे वितरण जाला. या योजनेअंतर्गत, दरवर्सा ६,००० रुपयांचो आर्थिक लाभ थेट लाभ हस्तांतरण (डीबीटी) पद्धतीन शेतकऱ्यांच्या आधार-लिंक्ड बँक खात्यांत तीन समान हप्त्यांनी हस्तांतरित करतात. प्रधान

मंत्र्यानी सुमार २,२०० कोटी रुपयांच्या खुपशा विकास प्रकल्पांचे उक्तावण केले आणि बुन्याद घाली

**पंचायत पोटवेंचणूक**

पेडणे तालुक्यातल्या  अरंबोलच्या ग्राम पंचायत  प्रभाग क्रमांक 4 आणि फोंडा तालुक्यातल्या   ग्राम पंचायत  प्रभाग क्रमांक 2 खातीर पोटवेंचणूक  आज 02 ऑगस्ट 2025 जाली.  मतदानाची वेळ सकाळी 8.00 ते सांजे  5.00 मेरेन आशिल्ली. ग्राम पंचायत अरंबोलच्या प्रभाग क्रमांक 4 खातीर दोन उमेदवारवेंचणूक  रिंगणात आशिल्ले आणि फोंडाच्या  दुर्भाट ग्राम पंचायत  प्रभाग क्रमांक 2 खातीर  तीन उमेदवार वेंचणूक  रिंगणात आशिल्लेपुराय  मतदान प्रक्रिया शांततयेन पार पडली. मतमेजणी  4 ऑगस्ट 2025 दिसा  मतमेजणी आठ वरा सावन सुरु जातली

**९ वेची सत्र १ आनी सत्र २ परीक्षांचे**

२०२५ - २६ वर्सा खातीर ९ वेची सत्र १ आनी सत्र २ परीक्षांचे वेळापत्रक जाहिर जालां. राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण लागू आशिल्ल्यान आता यत्ता णवेच्यो परीक्षा गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळ आयोजित करता. सत्र १ परीक्षा २३ सप्टेंबर २०२५ जाल्यार सत्र २ परीक्षा २२ फेब्रुवारी २०२६ ह्या दिसा सुरू जातली. सत्र १ परीक्षा फुडल्या म्हयन्याच्या २३ तारकेक सुरू जावन १ ऑक्टोबराक सोंपतली. ह्या परीक्षेची वेगळी आसन वेवस्था आसची ना. दरेका शाळेंत ह्यो परीक्षा जातल्यो. गोंयभरातल्या ३१ केंद्रानी

पेपरा दिसा सकाळी प्रश्नपत्रिकांचे वितरण जातलें. राज्य पांवड्यार वा ताच्या वयल्या पांवड्यार खेळपी विद्यार्थ्यांची परीक्षा बुडची न्हंय म्हूण अशा विद्यार्थ्यां खातीर पुरवणी परीक्षा घेतले अशें गोवा बोर्डाचे सचीव विद्यादत्त नाईक हांणी सांगलां.

**खण आनी भूगर्भशास्त्र संचालनालय**

खण आनी भूगर्भशास्त्र संचालनालय, मिनेझिस ब्रागांझा संस्था इमारत, पणजी हांगा कार्यरत आशिल्ल्या उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हा मिनरल फांउडेशन कार्यालयांचें स्थलांतर केला.

उत्तर गोंय जिल्हा मिनरल फांउडेशन कार्यालयाचें स्थलांतर 1 ऑगस्ट सावन FT/03, 4 थो माळो, नावेलकर ट्रेड सेंटर, एम. जी. रोड, पणजी-403001 हांगा केला. जाल्यार दक्षीण गोंय जिल्हा मिनरल फांउडेशन कार्यालयांचें स्थलांतर 1 ऑगस्ट सावन रूम नं. 30, तळघर, माथानी साल्डाणा प्रसासकीय प्रकल्प, मडगांव- 403601 हांगा केला.संबदीत जिल्हा मिनरल फांउडेशन कार्यालयाचो पत्रवेव्हार ह्या फुडें वयल्या नाम्याचेर करचो.

**रुमडामळ-दवर्ली**

मडगाव: साश्टी तालुक्यात आस्पावपी रुमडामळ-दवर्ली पंचायत तशेच नावेली पंचायत ह्या दोन पंचायतींची रिती जाल्ली पदां भरुन काडपाखातीर साेमार ४ ऑगस्ट दिसा वेंचणूक बसका जावपाची आसा.रुमडामळ - दवर्ली ह्या पंचायतीच्या सरपंच आनी उपसरपंच ह्या दोगांनी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान ती भरपाखातीर

सोमारा वेंचणूक जातली. सध्या ह्या पंचायतीचो ताबो भाग उदरगत अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान नेमिल्ल्या प्रशासकाकडेन आसा.

नावेली पंचायतीच्या सरपंचान आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान हेय पद रिकामे आसा. हे पदय सोमारा जावपी बसकेत भरुन काडटले.

**डॉ.भूषण भावे**

विद्यार्थ्यांनी आपलें शिक्षणीक यश तिगोवचें आनी वाडोवचें अशें प्राध्यापक डॉ.भूषण भावे हांणी सांगलें. आयचो संवसार फकत दोतोर, अभियंतो, चार्टर्ड एकाउंटंट ह्या वेवसायांपुरतो मर्यादीत ना, पूण हेर जायते वेवसाय आयच्या विद्यार्थ्यांक आकर्शीत करतात अशें तांणी सांगलें. विद्यार्थ्यांनी आपली आवड सोदून काडून आपली कुशळटाय वाडोवपाचो येत्न करचो अशें तांणी सांगले. अमेय विद्याप्रसारक मंडळान आयज आयोजीत केल्ल्या ‘पत्रकार दीस’ आनी विद्यार्थी सन्मान सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. श्री अमेय उच्च माध्यमिक शाळेच्या कुर्टी फोंडाच्या सभाघरांत हो सुवाळो जालो. पत्रकार दिसा निमतान वरिश्ठ पत्रकार मुकेश कायसुवकार हांचो डॉ भूषण भावे हांणी भोवमान केलो. अमेय विद्याप्रसारक मंडळान फाटलीं 25 वर्सां लोकमान्य पुण्यतिथी निमतान दर वर्सा पत्रकाराक मान दिवपाची परंपरा तिगोवन दवरल्या अशें अध्यक्ष संदीप खांडेपारकर सांगलें.

नीळकंठ हळर्णकार

बुल ट्रॉलींग नुस्तेमारीची गंभीरतायेन दखल घेतना ड्रोनच्या आदारान बुल ट्रॉलींग नुस्तेमारीचेर कारवाय करपाचो निर्णय घेतल्याने नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री नीळकंठ हळर्णकार हांणी सांगलें.

नुस्तेमारी, गोरवा पोसप तशेच कारखानो आनी बाश्पक खात्याच्या मागण्यांक चर्चे उपरांत सभाघरान मान्यताय दिली. कुर्टी – फोंडा हांगा पशूवैजकी म्हाविद्यालयाच्या इमारतीचे काम सुरू आसा. हाचे खातीर ३० कोटींची तजवीज आसा. मुळगाव हांगा ११ कोटींच्या पशूवैजकी इस्पितळ उबारपाचो वावर सुरू आसा. चिखली हांगा गोरवांच्या उपचारा खातीर डीस्पेन्सरी सुरू जातली, अशें मंत्री नीळकंठ हळर्णकार हांणी सांगलें.

## युनिफाइड पेमेंट्स

भारताचो डिजिटल पेमेंटचो आधार आशिल्या युनिफाइड पेमेंट्स इंटरफेस (UPI) न जुलै २०२५ त १,९४७ कोटी व्यवहारा सयत एक नवीन विक्रम नोंद यला, ज्याचे मोल २५.१ लाख कोटी रुपया आसा. या आकडेवारी प्रमाण व्यवहारांच्या प्रमाणात वर्षानवर्सा ३५ टक्के वाढ जाला आणि मोलात २२ टक्के वाढ जाल्या, जी डिजिटल पेमेंट इकोसिस्ट मात (UPI) चे सतत वर्चस्व अधोरेखित करता.दिसपट्टे सरासरी (UPI) व्यवहारांची संख्या जूनात ६१.३ कोटींवेल्यान ६२.८ कोटींर पावल्या. उद्योग तज्ञांचा असो विश्वास आसा की ही सातत्यपूर्ण वाढ (UPI) क्रेडिट, आवर्ती पेमेंट आणि कॅशलेस व्यवहारांक प्रोत्साहन दिवपाक सरकारच्या फुडारपणा खालच्या प्रयत्नानी आनी नवकल्पनांक लागुन जाता